## माहिती हक्क दीस कार्यावळीचें आयोजन

## माहिती हक्क कायदो भौशीक अधिकारिणींक जापसालदार धरपाक नागरिकांक अधिकार

ता. 14 ऑक्टोबर 2025

देशांत दर वर्सा 12 ऑक्टोबराक "माहिती हक्क दीस" मनोवपात येता. ह्या दिसा देशांत "माहिती हक्क कायदो 2005" अमलात आयलो. म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान गोंय राज्य माहिती आयोगाच्या सहकार्यान ता. 15 ऑक्टोबर 2024 दिसा ओल्ड गोवा रेजिडन्सी, ओल्ड गोवा हांगा सगळ्यो ग्रामपंचायती आनी नगरपालिकांच्या भौशीक म्हायती अधिकारी आनी अपेलेट अधिकाऱ्यांक म्हायती हक्क कायद्याची म्हायती करून दिवपा खातीर विशेश कार्यावळीचें आयोजन केला.

"माहिती हक्क कायदो 2005" ची अंमलबाजावणी जावन आयज 20 वर्सा पुराय जातात. प्रशासनात पारदर्शकता आनी जापसालदारकी हाडपा खातीर म्हायती हक्क कायदो हो सामान्य नागरिकांच्या हातांतले एक शस्त्र जावन आसा. 2005 सावन म्हायती अधिकार कायदो आमच्या लोकशाय राष्ट्रा खातीर मार्गदर्शक म्हणून काम करता आनी प्रशासनात पारदर्शकता राखपाक मजत करता.

गोंय राज्य आपल्या प्रशासनातल्या पारदर्शकतेच्या बाबतीत फुडें आसा. केंद्र सरकारान म्हायती अधिकार कायदो लागू करपाच्या आदी गोंय सरकारान म्हायती अधिकार कायदो 1997 लागू केल्लो. आता त्या जाग्यार म्हायती अधिकार कायदो 2005 लागू आसा.

देशातल्या प्रत्येक नागरिकांक भौशीक प्रशासनातल्या वेव्हाराविशी जाणून घेवपाचो अधिकार आसा. माहिती हक्क कायदो भारतीय नागरीकाक आपल्याक जाय आशिल्ली प्रशासकीय वेव्हारातली म्हायती मेळोवपाचो वा तपशील जाणून घेवपाचो अधिकार दिता.

म्हायती अधिकार कायद्याच्या तरतुदींनुसार, खंयचोय भारतीय नागरिक देशातल्या भौशीक अधिकारीणी वा प्राधिकरणा कडल्यान म्हायती मेळोवाक शकता आनी मागिल्ली म्हायती दिवप ही भौशीक म्हायती अधिकाऱ्याची जापसालदारकी आसता. मागिल्ली म्हायती बेगीनात बेगीन वा तीस दिसांच्या काळाभितर दिवप आवश्यक आसा. जर एखाद्या अर्जदाराच्या बाबतीत
जीण आनी स्वातंत्र्य धोक्यात आसल्यार मागिल्ली म्हायती 48 वरां भितर दिवपाची तजवीज कायद्यात आसा.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या गतिमान फुडारपाणाखाला म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यान मार्च 2023 त गोंयांत ऑनलायन आरटीआय पोर्टल सुरू केलो. पोर्टला वयल्यान ऑनलायन प्रक्रिये वरवीं आवश्यक म्हायती मेळोवपाक नागरिकांक मजत जाता. म्हायती अधिकार अर्ज आनी पयलो अपील अर्ज दाखल करपाक लेगीत ऑनलायन पोर्टलाची सुरुवात केल्या. ही सुविधा उपलब्ध करून गोंय सरकारान पारदर्शकता आनी डिजिटल मळार सुरू केल्ले एक क्रांतिकारी पावल

आसा. ह्या प्लॅटफॉर्माक लागून नागरिकांचो प्रतिसाद वाडला आनी सरकारी विभागांनी म्हायतीचो प्रवेश अधिक सोयीस्कर, कार्यक्षम आनी सुलभ जाला. हे डिजिटल माध्यम सामान्य भारतीय नगरिकांक सक्षम करता.

म्हायती अधिकाराचो वापर सोपेपणी करपा खातीर एनआयसी न हो पोर्टल डिझाइन आनी विकसित केला. कांय अर्जदारांनी पोर्टल वापरा बाबतीत प्रश्न उपस्थित केल्ले. तांच्या समस्यां लेगीत तत्काळ सोडोवपाचे काम एनआयसीच्या मजतीन जाला.

म्हायती अधिकार कायद्यान नागरिकांक भौशीक अधिकाऱ्यांकडल्यान म्हायती मेळोवपाचो अधिकार दिला. म्हायती अधिकार कायद्या लागून प्रशासनात पारदर्शकता आनी जापसालदारकी वाडल्या. अधिकाराचो वापर करून नागरिक सरकारी निर्णय आनी धोरणांविशीं म्हायती मेळोवपाक शकता. म्हायती अधिकार कायदो सरकारी वेव्हारात पारदर्शकता हाडपाक म्हात्वाचो थारला. म्हायती आनी प्रसिद्धी खाते गोंयांत म्हायती अधिकार कायद्याची अंमलबजावणी करपा बाबतीत देखरेख दवरता. मागिल्ली म्हायती वेळार दिवपात पीआयओ कळाव करतात अशो आरटीआय कार्यकर्ते वा अर्जदारांच्यो कागाळी आसतात. त्या खातीर भौशीक अधिकाऱ्यांनी मागिल्ली म्हायती वेळार दिवपाक प्रयत्न करप आवश्यक आसा. म्हायती मुजतीच्या काळाभितर दिवन अर्जदाराक अपील वा कागाळ करपाची संद दिवपाक फावना, जेणे करून कागाळी प्रलंबित उरच्यो ना आनी सरकारी यंत्रणांचोय वेळ वाचतलो.

सर्वोच्च न्यायालय, केंद्र आनी राज्य सरकाराच्या विविध निर्देशांचे पालन करून म्हायती अधिकार कायदो 2005 च्या तजवीजांक पाळो दिता. पारदर्शकता, जापसालदारकी सांबाळून काम केल्यार म्हायती अधिकार अर्जांची आवश्यकता कमी जावपाक शकता.

गोंय राज्य म्हायती आयुक्तांन कायद्याची पुस्तिका प्रकाशित केली आसा. आहे, गोंय राज्य माहिती आयुक्तांन विविध निर्णयांची अंमलबजावणी केल्या. कोंकणी भाशेंत आयिल्ल्या अर्जाचे उत्तर फक्त कोंकणी भाशेत दिवपाक जाय. आरटीआय कायद्याची यशस्वीपणान अंमलबजावणी करून नागरिकांक सक्षम करपाक आयोग प्रयत्न करता.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/816

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.